मौगाळ भयण

AN APPEAL TO DONATE ANTIQUES AND CURRENT COMMODITIES

NEHRU CHILDREN'S LITERATURE ACADEMY

Regd. No.- JSP-1165/12 of 2001-2002

RAMA DEVI PATHAGARA (Library)

Regd. No.- JSP-1166/13 of 2001-2002

BABAJI SANGRAHALAYA (Museum)

Regd. No.- JSP-1183/30 of 2001-2002

Estd. 1990

Bijaya Kumar Mohapatra
Secretary

At- Pakanpur, P.O.- Kaduapada
Dist- Jagatsinghpur (Orissa), India
Phone - 06724-220554 (P.P.)

- Antiques and current coins, Paper Currencies, Postal Stamps etc. of any country.
- Any manuscript of Palm leaves of any language.
- Old and Current books, periodicals and Newspapers of any language.
- Coloured Post-card size photograph and Bio-data of any person devoting himself/herself for literature/Children's literature.
- Photographs of different temples, Churches, Mosques and tourist spots etc.
- If you are the office bearer of any literary organisation/library etc., kindly send your colour postcard size photograph with a brief note on yourself and the organisation/ library etc.
- Antiques of any country made from wood, stone, horn or earth (Old ornaments, Scripts of different countries, medals- Military or Civil, etc.)
- Photographs, statues, dresses, handwritten letters, furniture, pen, hat, arms and weapons, sword, bow and arrow etc. of kings and queens, soldiers, scientists or great men of any country.
- Any thing that you feel worth preserving.

KINDLY CO-OPERATE

If you want to be a member/ lifemember of any of the above organisation, kindly contact.

Donate furniture, Chairs, Tables, Cupboards, polythene bags and files etc. to preserve the antiques.

You are extended a warm and cordial invitation to pay a visit to the museum and library at any time.

Secretary

मोगाळ भयण

वर्ष : ३ संख्या : २वो जुलाई-सितम्बर, २००३

उपदेष्टा :-

एन. शिवदास

सम्पादक:

विजय कुमार महापात्र

सम्पर्क व पत्रव्यवहार;

सम्पादक, **"मोगाळ भयण"**
ग्राम- पाकनपुर
डाक- कादुअपड़ा-७५४१०६
जिला- जगतसिंहपुर (ओड़िशा)

मूल्य : रू ५.००
वार्षिक : रू २०.००
आजीवन : रू १०००.००

बाबू

रामनाथ गावडे

गीत गावंक रवोशयेचें
जमलीं भुरगीं गांवची
स्वागत करुंक बाबूचें
नाचली पाडकां आमचीं।

येयात येयात काक्यानो
खळयांत येवन नाचात
बाबूच्या आज्या कडल्यान
पेढे घेवन वचात।

गुटगुटीत बाबू आमचो
गो-या गो-या पोल्यांचो
सगळ्यानी येवन ताचो
गोड गोड घेवचो उमो।

तुमी बाबुबांगडा खेळचे
आनी देवाकडेन मागचें
ताका खूब खूब शिकप
आनी बरे जिवीत लाबचें।

तुमी खाल्यार पावळें म्हाका

जयमाला दणायत

एक आशिल्लो मनीस. तो ताजे बायले बरोबर रावतालो. बावडो खंय खंय कामा करून दोगांकूय पावसारकें घरांत हाडटालो. पूण घरकान्नीन किदें करचें, तो हाडटा तातूंतलें चोरून आपणें बरें पोटभर खावचें आनी उरता तें शिजोवन ताजे दोन वांटे करचे. एक घोवाक आनी एक आपल्याक! घोवाक बावडयाक पोटभर अन्न मेळनासलें. ताका सदांच अर्द कुटचा पोटार

पानावयल्यान उठचें पडटालें. म्हणून त्या मनशान हाडाची काडां करून सदांच चड मेळोवचेलो यत्न करचो. पूण कितलेंय हाडलें जाल्यार तीच गजाल! बायलेन तांतलें बरें अर्द काडून लिपोवचें. आनी मागीर उरता तें रांदचें. आनी घोवाक वाडटना सदांच दायेन तपल्यांत खटखटावचों? म्हणटकच घोवाक दिसतालें, शीत सोंपत आयलें. ताणें म्हणचें, "आगे, सगलें म्हाका वाडल्यार तूं किदें करतली? तुका थोडें दवर."

तिणें जाप दिवंची, "जेवात तुमी पोटभर! तुमी खाल्यार पावलें म्हाका." घोवाक बावड्याक तिजी काकूट दिसताली. आनी अर्द पोटाचेर ताणें आपलें पोट भरलां अशे दाखोवन फाटल्यान तिका अन्न दवरचें. अशे तरेन तो सदांच उपाशीं उरतालो. तो जसो कामाक भायर सरनाका, हे वटेन बायलेन बरें बरें रांदचें आनी एकलेनूच बसून सगलें गिळचें. अशे सदांच चलतालें. हाका लागून तो बावडो सुकून कांटो जालो आनी ती मात दुदी कशी दिशींमाशीं फुगत गेल्ली.

एक दीस तो आपल्या एका इश्टागेर गेल्लो. थंय ताका पळोवन इश्टाचो आवरोच उडलो, "आरे तुका जालां तरी किदें ? असो सुकतडो किद्यान लागला बाबा? सामको सुकिल्लो बोंबील कसो जाला मरे तूं!" तो किदें उलयतलो. ताणें सदां घडटा तशे सगलें सांगले. "आरे, जोडिल्ली जोड पोटाक पावना. कितलेंय चड घरा व्हेल्यार लेगीत एक उंडी कांय चड मेळना. म्हणून म्हजी ही परिस्थिती जाल्या. बायल

मात कशी फुगता म्हणून देव जाणा. हांव जेवन उरता तें ती खाता. पूण ती टुणटुणीत जाल्या." इश्टाक ताजी काकुट दिसली. किदें घड़टा जावंचे हाजो ताका अदमास आयलो. ताणें ताका धीर दिलो आनी पिठाच्यो ल्हानशोच तीन बावल्यो करून ताका दिल्ल्यो आनी सांगले, घरांतल्या दरेका दारार कोणाक कळूंक दिनासतना एकेक बावली दवर, म्हणटकच तुका गूण येतलो. ताका बावड्यार कांय समजलोंना. पूण ताणें इश्टावयल्या विश्वासान आनी श्रद्धेन त्यो बावल्यो व्हेल्यो आनी बायलेक थाव लागूंक दिनासतना ताणे एक बावली रांदचेकुडीच्या दारार लायली, दुसरी मदले कुडीच्या दारार दवरली आनी तिसरेक फुडल्या दारार बसयली. आनी तो आपल्याल्या कामाक गेलो.

हेवटेन सदांभाशेन बायलेन घोव भायर सरून वचनाफुडें बरें चमचमीत जेवण केलें आनी ताट घेवन तातूंत ताटभर वाडून घेवंक लागली. तेबरोबर रांदचेकुडींतले बावलेन म्हळें, "अयाया! हें गे बाये किदें". मदले कुडींतले बावलेन जाप केली, "सदींचेंच तें". तें आयकून मुखावयल्या दारांतले बायलेन म्हळें, "घोव येयलो गे येयलो". बायल पयलींच तांची उलोवणी आयकून भियेली. तातूंत आनीक "घोव येयलो गे" म्हणिनाफुडें सामकीच आकूळ पिकूळ जाली आनी बेगबेगीन तिणें ताटांत वाडून घेतिल्लें तें परत तपल्यांत रकयलें आनी बेगबेगीन मुखावयल्या दारांत गेली. पळय जाल्यार कोण ना. अशे दोन-तीनदां जालें.

तिणें वाडून घेयसर हेवटेन त्या बावल्यांचें उलोवणें सुरू जावचें आनी तिणें भियेवन बेगीबेगीन जेवण धांकून दवरून भायर धांव मारची. पळय जाल्यार घोव ना आनी कोण ना. अशें दोनचारदां जातकच तिका मारली भिरभिरी सामकी! तिका तें फट म्हणून कळ्ळें. आनी भोंगूं तें म्हणून ती तशीच जेवंक बसली. पूण ह्या वेळार घोव खरोच आयिल्लो. तिका तें समजलेंच ना. आनी तिणें शीत कालोवन उंडी मात तोंडांत घाल्या, इतले म्हणसर घोव रांदचेकुडींत पावलो. पळय जाल्यार बायलेन ताटभर वाडून घेतलां आनी झेतात बरी जेवता. "आर्रा तूं! ज्युस्त धरली तुका. असलें करता?" आनी "तुमी खाल्यार पावलें म्हाका" अशें म्हण न्हय? "मोटी काळाची मगे तूं बायल?" अशें घोवान म्हणिनाफुडे घोवाक पळोवन पयलींच काचाबूल जाल्ले बायलेन तशेंच उश्टयाच्या हातांनी घोवाले पांय धरले आनी नाक घांसले. परत आपूण अशें केन्नाच करचिंना म्हणून सोपूत घेतलो. तेन्नासावन घोवाक पोटभर जेवंक मेळूंक लागलें. ताणें आपल्या इश्टाचे उपकार मानले. आनी तीं सुखान रावूंक लागलीं.

विचित्र मागणी

विद्या नाडकर्णी

एक राजा आशिल्लो. ताका जितें फडफडीत नुस्तें खावपाक खूब आवडटालें. एक दीस दर्या भयंकर येवळ बाद खवळील्लो. देखून नुसतें गरोवपी लोक दरयार नुसतें धरपाक वचूंकना. ते खातीर राजाक ताजें नुस्तें मेळूंक ना. राजाक तर नुसत्याबगर एकूय उंडी चल नासली. म्हूण आपल्याक जो कोण ताजें नुस्तें हाडून दितलो ताका मोटें इनाम फावो जातलें अशें पेरगांव घालपाक राजान मंत्र्याक सांगलें.

एक सामको गरीब नुस्तेकार आशिल्लो. ताणे राजाचें हें पेरगांव आयकलें. ताणे मोटें धाडस केलें आनी दर्यांत वचून तो ताजें फडफडीत नुस्तें घेवन आयलो. तें नुस्तें घेवन तो राजम्हालांत गेलो. राजम्हालाच्या रक्षकान ताका दारांतूच आडायलो आनी ताका घेवन तो प्रधानाकडे गेलो.

हांव तुका राजाकडे वचपाक सोडटां पूण म्हजी एक अट आसा. राजान तुका दिल्ल्या इनामाचो अर्धो वांटो तुवें म्हाका दिवंक जाय. म्हळ्यारच हांव तुका भितर सोडटा अशें प्रधानान नुस्तेकाराक सांगले. प्रधानाली ही मागणी नुस्तेकाराक मानवली ना. तरी पूण किदें करतलो अशें चितून ताणे प्रधानाली मागणी मान्य केली.

मागीर राजाल्या रक्षकान नुस्तेकाराक राजाम्हऱ्यांत व्हेलो. ताजें फडफडीत नुस्तें पळोवन राजा भोव खोशी जाली.

नुस्तेकारची ताणें तोखणाय केली. आनी तुका किदें इनाम जाय तें तूं माग अशें राजान नुस्तेकाराक सांगलें. महाराज म्हजे फाटीर चाबकाचे पन्नास फटके मारात. हेंच इनाम म्हाका जाय अशें नुस्तेकारान राजाक सांगले. नुस्तेकाराची ही जगावेगळी मागणी आयकू न राजाक अजाप जालें. तरी पूण नुस्तेकाराल्या फाटीर चाबकाचे ल्हवूच पन्नास फटके मारपाची आज्ञा राजान सेवकाक दिली.

जेन्ना पंचविस फटके मारले तेन्ना-थांब उरील्ले पंचवीस म्हज्या वांटेकाऱ्याक मारात. नुस्तेकारान म्हळें.

तुजो वांटेकरी कोण? राजान नुस्तेकाराक विचारलें, तुमचो प्रधान होच म्हज्या इनामाचो अर्दो वांटेकारी. नुस्तेकारान सांगलें.

नुस्तेकारालें हें उत्तर आयकून सगळी गजाल राजाच्या लक्षांत येवंक वेळ लागलो ना. राजा रागान सामको तांबडोगूंज जालो. प्रधानाक बेगोबेग म्हजेमुखार हाड़ात. राजान हुकुम सोडलो.

प्रधानाक धरुन राजामुखार हाडलो. राजान ताका चाबकाचे पन्नास फटके खूब जोरांत मारपाचो हुकूम दिलो. प्रधानाची भियेवन सामकी गुळी जाली. तो काकुळटेक आयलो. राजाच्या हातांपायां पडलो. पूण राजान ताची काकुळूट करुंक ना. त्या अप्रामाणिक, लालची, स्वार्थी प्रधानाक कादयेंत उडयलो. आनी नुस्तेकाराच्या बुदवंतपणाची तोखणाय करून ताका खूब भांगर, पयशे दिवन घरा धाडलो.

एकवट

माया अनिल खरंगटे



एक आशिल्लें रान त्या रानांत जायतेतरेचीं सुकणीं आनी सावदां रावतालीं. तीं सगळीं एकामेकाचीं बरीं इश्ट आसलीं. त्या रानांतल्यान, एक न्हंय व्हांवताली. सदांच सगळीं सुकणी आनी सावदां थंय उदक पियेवंक, न्हावंक म्हणून येतालीं. त्या वेळार हतींचो कळप जर थंय पावत, जाल्यार ते एकामेकांचेर उदक उडोवन बरी मजा करताले.हेर जनावरांकय ते उदकान भिजयताले. अशे तरेन त्या

रानातलीं जनावरां, सुकणी खोशयेन जियेतालीं.

एक दीस कितें जालें. एक शिकारी त्या रानांत शिकारेक म्हणून आयलो. ताका एक गुबगुबीत बरो सोंसो झाड़ाचीं मुळां उस्तिता तो दिसलो. शिकाऱ्यान दिस्त नेम धरून एक गुळी ठो ऽऽ करून माल्ली. ती सारकी सोंशाच्या तकलेक लागली. फड फड जावन सोंसो मरून पडलो. झोंपाच्या फाटल्या वटेन सोंशाची बायल आनी भुरगीं आसलीं. ताणी रडत-किळच धांव मारली.

तो मेल्लो सोंसो शिकाऱ्यान पिशवेंत भरलो आणि पिशवी घेवन तो घरा गेलो.

हेवटेन कितें जालें, सोंशाची बायल भुरगीं रडत धांवताली तें हेर जनावरांनी पळयलें. सगळीं तांचे भोंवतणी जमलीं. कोलयेन विचारलें-

सोंशीणबाय, सोंशीणबाय, अशी रड़टा कित्याक ? सोंशीणीन रड़त रड़त सगळी गजाल सांगली. ती आयकून सगळ्यांक संताप आयलो. ताणी शिकाऱ्याचेर दांत ओंठ कड्डिले.

जालें, आनी दोन दिसांनी शिकाऱ्याच्या बायलेन ताका सांगले. 'आज बरी शागोती खायन दिसल्या, रानांत वचून कितेंय मेळटा जाल्यार पळयात.'

शिकारी पोती, तुबक घेवन रानांत गेलो. न्हंयचेर जनावरां उदक पियेवंक येतात हें ताका खबर आसलें. देखून न्हयचे धडेवेलें, व्हडव्हड खांदयांचें झाड़ सोदून तो ताचेर बसलो. थोड्या वेळान एक साळीचो पेटो न्हंयचेर

उदक पियेवंक आयलो. शिकाऱ्यान ताका दिस्त पळयलो आनी ठो ऽ करून फार मारलो. फड्ड फड फड जावन पेटो मरून पडलो. शिकारी थोडो वेळ आनीक कोणय जनावर येत काय म्हूण दपून रावलो. उपरांत सकल देंवलो. पेटो पिशवेंत हालून ताणे पिशवी खांदार मारली आणी घरचे वींटेक लागलो.

आतां दोन दोन दिसांनी शिकारी रानात येवन सावज मारून व्हरतालो.

आयजा ताका तुबक घेवन येतना कांय माकडांनी आनी सुकण्यानी पळयल्लो. हळूच पयस रावन ते ताका पळेत आसले. शिकात्यान ठो ऽ करून बडयेंल्यान उजो भायर काडलो आनी एक दुकरा पेटो मरून पडलो. तें पळोवन तांकां अजाप जालें. आनी भंयान थरथरो भरलो. आसा थंयच ते उस्वास रोखून रावले.

शिकारी बरो पयस पावतकच ते उडयो मारीत दुकरीणी म्हऱ्यांत आयले. घडिल्ली सगळी घडणून दुकरीणीक सांगली. ते बरोबर दुकरीण आनी पेटे व्हडा व्हडान किळच्यो मांरूक लागले. तांचो बोवाळ आयकून सगळीं जनावरां तांचे भोंवतणी जमलीं. माकडांनी आनी सुकण्यानी घडिल्ली घडणूक सगळ्यांक सांगली.

खबर आयकून सगळ्यांक भंयान कडकडो भरलो..... मनीस जर असो मदीं मदीं रानात येवन एक एक करून जनावरां मारूंक लागलो जाल्यार आमचें कशें जातलें भीयेत भीयेत हरणान म्हळें -

'आमी आतां सदांच

दिसाचीं लिपून रावुंया. सोंशान मिश्यो हालयत सांगलें.'

अशें कशें जातालें? आमकां खावंक जेवंक कोण दितलो?

गव्या रेड्यान म्हळें. इतल्यान हतयान सांगलें, तो पळे मनीस येता ते वाटेर कोणेय दोन दोन शेवण्यांनी लिपून रावप. मनीस आयलो काय आमकां सांगप. मागीर आमी लिपुंया.

हय, हय, अशेंच करूया.

सगळ्यांनी एका आवाजान म्हळें.

जालें, थारायील्ल्या प्रमाण कावळो, कीर, पाखो कोणय तरी राखण करतालो.

दोन चार दिसांनी दुसऱ्या रानांत गेल्लो कोलो परत आयलो. पळे जाल्यार एक्क जनावर फिरताना, खेळटना दिसलें ना. कोल्यान अजापान एकट्या एकट्याक उलो केलो. लिपिल्ले जाग्या वेल्यान जनावरां पळेतालीं पूण कोण भायर आयलो वा कोणे आवाजय दिलो ना. तेन्नाच पारव्यान मनीस येता म्हणपाची खूण केली. तांकां सादयत कोलो मुखार गेलो.

शिकारी सदचेवरी येवन झाडार बसलो. कितलोच वेळ ताणे वाट पळयली. एक्क सावज ताका मेळ्ळें ना. निमाणे वाजेवन तो गेलो. तो राना भायर पाविल्याची खूण कावळ्यान करतकच एक एक करून सगळीं जनावरां भायर सरलीं.

अजापन कोलो पळयत उरलो. ताणे म्हऱ्यांत आशिल्ल्या सोंश्याक विचारलें,-

सोंश्या, तुमी सगळीं अशीं लिपिल्लीं कित्याक?

आणी त्या कावळ्यान 'मनीस गेलो, सरा भायर' म्हणटकच तुमी भायर सरले. जालां कितें तुमचें?

सोंशयान ताका त्या दिसाच्यान घडिल्ली सगळी खबर सांगली. सगळें आयकून कोल्यान हांसून म्हळें,

इतलेंच मरे, आज सांजेर तुमी सगळीं न्हंयचे धडेर येयात. म्हजे तकलेंत एक युक्त आयल्या.

सोंशान कावळ्याकडल्यान सगळ्या जनावरांक आपोवणे धाडलें.

सांजवेळचीं सगळीं जनावरां सुकणी न्हंयेचे धडेर जमलीं. कोल्यान तांकां म्हळें,

-

आमी एकवटान काम केल्यार केद्याय व्हड अरिश्टाकडेन आम्च्यानी झुजूं येता.

अशें म्हणून कावळ्यान तांकां एक युक्त सांगली. सगळ्यांक ती आवडली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं कोल्यान सांगिल्ल्या प्रमाण सगळीं जनावरां आप-आपल्या जाग्यार लिपून राविल्लीं. रानात भितर सरता तो वाटेवेल्या झाडार कावळो बसून रावलो.

दोन-तीन दीस शिकारी आयलोच ना. चवथ्या दिसा सकाळी कावळो कांव कांव करून आड्डपाक लागलो. कावळ्याचो रकाद किरान मुखार व्हेलो. किराचो रकाद सुकण्यानी रानभर पावयलो. जांकां जांकां कामा सांगिल्लीं तीं जनावरां तयारेन बसलीं.

शिकारी आयलो आनी सदचेवरी न्हंयचो धडेर बागवल्ल्या झाडार बसलो. तुबक जोखून तो सावजाची

वाट पळोवंक लागलो. शिकाऱ्याचेर बारीक नदर दवरून कोलो बशिल्लो. ताणे कुरू केले बरोबर, न्हंयचे देगेर आशिल्ल्या झोंपा फाटल्यान लिपून बशिल्ले हत्ती एकदम उदकांत देंवले. सोडेंत उदक घेवन झाडार बशिल्ल्या शिकाऱ्याचेर ते उदक मारूं लागले.

अचकीत उदकाचो शिंवर जातकच शिकारी भियेलो. दोनय हातांनी तोंडार पडपी उदक आडायतासर कावळ्यांनी आनी किरांनी ताचे तकलेर चोंची मारूंक सुरवात केली. कळ सोंसू नज जातकच ताच्या हातांतले तुंबक सकल पडलें. माकडांनी वेळ केलो ना. तें तुबक व्हरून सोमतेंच न्हंयत उडयलें.

शिकारी कसो तरी झाडा वेल्यान सकल देंवलो आनी ताणे धांव मारली. ताच्या फाटल्यान सगळीं जनावरां लागलीं. कोल्यान ताची पेन्ट पिंजली, माकडांनी ताका बुड्डिलो. तो रानाभायर पावतासर सुकणीं ताका चोंचायत ताचो फाटीक लागलीं.

तेन्नाच्यान तो शिकारी परत म्हणून त्या रानांत आयलोना आनी खंयच्याय शिकाऱ्यांनी त्या रानांत वचपाचो यत्न केलो ना. त्या रानांतलीं सगळीं जनावरां पयलेवरी मायेमोगान रावंक लागलीं.

कोलो बुद्दीन भालो

सुधा खरंगटे

एका रानांत एक शींव रावतालो. तो त्या रानाचो राजा आशिल्लो.

तो पोटाक भूक लागल्यारच आपले घोलींतल्यान भायर सरतालो. शिकार करतालो. दिसाक एक सावज मारून खावन पोट भरलें म्हणजे मागीर तो कोणाचेच वाटेक वचनाशिल्लो.

असो हो रानाचो राजा!

पूण आतां तो साप्प जाण्टो जाल्लो. पयलींभाशेन सावजां फाटल्यान धांवत वचून तांची शिकार करप ताका जमनाशिल्लें. दांत पडपाक लागिल्ले. नाखटांय पयलीं भाशेन उरूंक नाशिल्लीं. राजाक उपास घडपाक लागले. तो येवजुपाक लागलो. आतां किदें करप? बशिल्लेकडेन शिकार कोण हाडून दितलो?

शेवटाक ताणें रानांत पेरगांव घालूंक लायलें.

माकडान गळ्यांत ढुमढुमें घालून तें 'ढम्-ढम्-

ढम्' करून वाजयत पेरगांव घालें.

आयकात! आयकात! राजा दुयेंत पडला. राजा बरो ना. खबरेक येतल्पांनी गर्दी करूं नये. एक एकट्यान येवन खबर घेवन वचचें रेऽऽऽ.....

सगल्या रानांत एकच बोवाळ पडलो. सगले एकमेकाक विचारूंक लागले... 'आरे, राजा बरो ना खंय? खबरेक वचचेंच पडलें... हांव आयजच वतां खबरेक...!'

'तशें जाल्यार हांव फाल्यां वतां. सगल्यांनी एकाच वांगड़ा गेल्यार राजाक पुरो जातलें....'

एक-एक जनावर खबरेक वचूंक लागलें.

राजा आपले घोलींतल्यान भायर लेगीत सरनासलो. आयज एकटो, फाल्यां एकटो.... अशे सगले ताचे घोलींत वचून ताची खबर घेवंक लागले.

हरणां, चितळां, सोंशे, माकड, लांडगे, वागटां, सगले खबरेक वचूंक लागले.

कोलो मात खबरेक पावकच नासलो. म्हणून एक दीस ताणें चिंतलें- 'चल, वचुंया राजाचे खबरेक. मागीर आनी ताचो शीण नाका, खबरेक आयलोचना म्हणून.' तो उठलो आनी शिंवाचे घोलीकडेन गेलो.

घोलीभायल्या धुल्लांत सावजांचीं खुबशीं गेतां-दावकुलां उदेल्ली तीं सारकीं दिसतालीं.

कोलो ते पावलांचे दाग बारीकसाणेन पळोवंक लागलो आनी ताच्या काळजांत कच्च जालें. सगलीं दावकुलां- गेतां - पावलां फकत भितर गेल्यांचींच! भायर कोण येवंक ना तर.

मागीर ताणें घोलीचो भायरच रावन राजाक उलो मारलो- 'राजा, आतां जिवाक कशें दिसता तुज्या? मातशें बरें दिसता न्हय?'

शींव कोल्याचो आवाज वळखलो आनी ताणें परवंत म्हळें- 'कोण? रे? खंप रे तूं?'

हांव इतलो तेंप जालो बरो ना आनी आयज खबरेक आयला? इतल्या तेंपान येता तो येता आनी भायलेभायर शी खबर घेता? यो असो भितर यो....?

कोल्यान जाप दिली - 'नाका राजा?... हांव भायल्यानूच खबर घेतां तो बरो...'

किदें रे? हांव दुयेंत पडलां म्हणून म्हजीं फकाणां करता? राजाक रेस्पेद दिवंक कळना तुका? यो असो भीतर यो...? शींव कोल्याक आग्रो करूंक लागलो.

कोल्यान म्हळें - 'पूण राजा, तुजे खबरेक गेल्ल्या सावजांचीं दावकुलां मातयेंत लागल्यांत.'

शिंवान विचारलें - 'चलतल्यांचीं दावकुलां लागतलींच न्हय? तातूंत किदें जालें?'

कोल्यान परत विचारलें- 'राजा, तुजे घोलींतल्यान भायर सरिल्ल्यांचीं गेतां-पावलां मातयेंत खंयच लागिल्लीं दिसनात. तुजे घोलींत भितर सरलो तो भायर सरूंक पावलोच ना अशें दिसता...! म्हणून हांगाच्यानच तुका बेगीन बरो जा म्हणटां. अशें म्हणून तो बुदवंत कोलो भायलेभायर परतलो आनी ताणें आपलो जीव वाटायलो.

वेर्नर हायझेनबर्ग

मुकेश थळी

वेर्नराचो जल्म १९०१ वर्सा जर्मनींतल्या वोएर्झबर्ग हांगासर जालो. मॅक्सी मिलीयनस जिम्नॅशियमांत विद्यालयीन शिकप घेतकच ताणें म्यूनिक विद्यापिठांतल्यान १९२३ वर्सा भौतिकशास्त्रांत डॉक्टरेट मेळयली. तेउपरांत कोपनहेगनांत बोरच्या Institute for Physics हांगा बोरावांगडा ताणें संशोधन सुरू केलें. पूंज सिध्दांतासंदर्भांत नील्स बोर आनी हायझेनबर्ग हांणी १९२५ त मांड़िल्ल्या

copenhegan doctrine खातीर ताका येवरोपांत आनी अमेरिकेंत व्हड मान्यताय मेळ्ळी. हायझेनबर्ग हो म्हान भौतिकशास्त्रज्ञ आशिल्लोच, पूण तेच वांगडा तो व्यासंगी तत्वज्ञ लेगीत आशिल्लो.

१९४५ वर्सा हायझेनबर्ग हाणें **Matrix Mechanics** ह्या म्हत्वाच्या शास्त्राची मांडावळ केली. ह्या गणिती तंत्रांत इलेक्ट्रॉनाचे वागणुकीचें वर्णन **Matrix Algebra** वरवीं बेस बरे रितीन केल्लें. आर्विल्ले भौतिकशास्त्राचे उदरगतीक ताका लागून तेवेळार बरीच गती मेळ्ळी. जायते हेर प्रस्न सुटावे करपाक मदत जाली. न्युटनान सांगिल्लें **Mechanics** शास्त्र अणुंमदल्या कणांइतल्या सूक्ष्म कणांचो वागणुकेचें स्पश्टीकरण दिवपाक अपेशी थरिल्ल्यान नवेनवे सिध्दांत मुखार येत आशिल्लो. रुदरफोर्ड, बोर ह्या शास्त्रज्ञांनी उपलब्ध म्हायती उदेशीं अणुकणांविशींच्या प्रयोगीक निरीक्षणांचें स्पश्टीकरण देवपाचे यत्न केले. पूण कांय घुस्पागोंदळाची रचणूक आशिल्ल्या अणुंविशींच्यो समस्या सुटाव्यो जाय नाशिल्ल्यो. मुखावयल्या कांय वर्सां भितर शोएडिंगर, डिरॅक आदी शास्त्रज्ञांनी इलेक्ट्रॉनाकडे कण म्हण पळोवपा सुवातेर तरंग म्हण पळोवन तरंग यामिकी **(wave mechanics)** वा पुंज यामिकिची मांडावळ केली **(quantum mechanics)**. ताका लागून जायत्या घुस्पागोंदळाच्या प्रस्नांच्यो जापो मेळ्ळ्यो.

कण वा तरंग हातूंतल्या एका किदच्यांत तरी अणू तयार जाल्लो आसता हें चित्र

मुदलांतूच उडोवन दिवन हायझेनबर्गान ऊर्जेच्यो पातळ्यो वा इलेक्ट्रॉन्साच्यो कक्षा फकत आंकड्यांचे भाशेंत परगटावन तांचें गणित matrix mechanics पद्दतीन मांडलें. ते उपरांत तो परत अणुंतल्या कणांच्यो सुवातो निश्चित करपाचे समस्येफाटल्यान पुराय लक्ष केंद्रित करूंक लागलो. हेच अथक खटपटींतल्यान ताणें नामनेचें 'अनिश्चततायेचें तत्व' (uncertainty principle) मांडलें. भांवडांनो, तुमी कॉलेजांत विज्ञान फांट्यांत प्रवेश घेतलो, जाल्यार हे विशीं सविस्तर अभ्यासपाक मेळटलें. १९२७ त 'पुंज यामिकी आनी पुंज गतीशास्त्रांतल्या प्रमेयांचो अर्थ' ह्या विशयाचेर प्रबन्ध बरोवन आपलो सिध्दांत ताणें मांडलो. अणुंतल्या एखादल्या कणाची सुवात आनी गती ह्यो दोनूय गजाली आमी एकाच खिणाक केन्नाच निश्चित करूंक शकनात. तुमी जितल्या अचूकपणान कणाची सुवात निश्चित करतले तितली चड अनिश्चितताताय ताचे गतीचे तुमी केल्ले मेजणेंत उरतली. हो हायझेनबर्गाच्या तत्वाचो थोडेभितर सार अर्थ. ताच्या ह्या अनिश्चिततायेच्या तत्वान आर्विल्ले पुंज यामिकिचें रूप थोड्याच काळांत नेटान बदलत गेलें.

जर्मनींत नाझींनी आनी इटलींत फॅसिस्टां नी ज्यूंचें हत्याकांड आनी हुकुमशायी राजवटीचो बळयां शेक सुरू करतकच जायत्या शास्त्रज्ञांनी देशांतर केलें. नामनेच्या येवरोपी भौतिकशास्त्रज्ञांतलो हायझेनबर्ग मात जर्मनींत रावलो. १९३९ त व्याख्यानां दिवपाक तो अमेरिकेक गेलो खरो पूण जर्मनीक परत

आयलो. इश्ट सैन्य जर्मनीत रिगतकच हायझेनबर्ग, ऑटो हान ह्या जर्मन शास्त्रज्ञांक अटक केली. तांकां इग्लंडांत १९४५ वर्सा बंदखणींत दवरिल्ले. ६ ऑगस्ट १९४५ दिसा हिरोशिमाचेर अणुबाँब हल्लो जातकच हायझेनबर्गान आपल्या वांगडच्यासयात अणुबाँब कसो तयार केला आसत, हे विशीं सविस्तर मांडावळ केली. थोडभि तर सांगपाचें म्हळ्यार हिटलराच्या हातांत अणुबाँब लागचो न्हय, अशी संशोधनाची दिशा ताणें दवरली आनी सगल्यांचो संहार करपी अण्वस्त्र झुजाची शक्यताय मुजरत टाळ्ळी.

हायझेनबर्गान मुखार पॉली आनी हेर शास्त्रज्ञांवांगडा वावर केलो आनी Quantum electrodynamics आनी Quantum field theory हांची घडण केली. Nuclear physics ह्या फांट्याची बुन्याद ताका लागून घटमूट जाली. Unified field theory ह्या विशयाचेर हायझेनबर्गान मोलादीक संशोधन केलें. पूण ताचें नांव अनिश्चितताये्च्या तत्वाखातीर भौतिकशास्त्रांत सदांच ऊंच सुवातेर उरतलें, हातूंत दुबाव ना.

वासाचें मोल

अभयकुमार वेलींगकार

एकदां एक मनीस रस्त्यावयल्यान वतालो. ताका बावड्याक दोन दीस कांयच खावंक मेळूंक नाशिल्ल्यान खूब भूक लागिल्ली. पूण किदेंय घेवन खातलो म्हळ्यार ताज्या बोल्सांत पानदुडूय नासलो. कशी तरी भूक सोंशीत तो चलतालो.

वतां-वतां तो एका हॉटॅलामुखार पावलो. हॉटॅलांत जायते लोक च्या पियेताले, पावभाजी, भजीं, इडली खाताले. भायरुचहारशांचो आरमारींत तरातरांचीं खाणां करून दवरिल्लीं जांचो वास येतल्या-वतल्यांच्या तोंडाक उदक काडटालो. त्या खाणांच्या वासान ह्या भुकेल्ल्याच्या तोंडाक लाळ सुटली जाल्यार अजाप न्हय.

हॉटॅलाचो नाबीर बशिल्ल्यान ताका हटकून विचारलें, 'पात्रांव किदें जाय?'

तेन्ना त्या मनशान तकली हालोवन म्हळें, 'म्हजेकडेन पयशे नात किदेंय घेतलो म्हळ्यार.'

मागीर मुखार वच तर ! त्या नाबीवयल्या मनशान म्हळें. तोच त्या हॉटॅलाचो पात्रांव आसलो.

तो खाणाचो वास त्या भुकेल्ल्याक कसोच मुखार वंचूक दिनासलो. तो थंयच घुटमळत रावलो. हॉटॅलाच्या पात्रांवान ताका पळयलो. तो थंयच घुटमळटा तें पळोवन ताका राग आयलो आनी ताणें ताका

न्यायालयांत व्हेलो.

त्या दिसा मुल्ला नसरुद्दीन न्यायालयांत काम पळयतालो. ताणें विचारलें, 'तुजी कागाळ किदें?'

हॉटॅलाच्या पात्रांवान सांगलें, 'ह्या मनशान म्हज्या हॉटॅलाभायर उबो रावन म्हज्या खाणाचो वास घेतलो. तेखातीर त्या वासाचें मोल ताणें फारीक करूंक जाय.'

नसरुद्दीनान त्या मनशाक विचारलें, 'हो किदें सांगता तें खरें? तुवें ताज्या खाणाचो वास घेतला?'

'हय सायबा', त्या मनशान जाप दिली, 'पूण म्हजेकडेन ताका दिवंक एक पानदुडूय ना.'

नसरूद्दीनान आपल्या बोल्सांतल्यान कांय नाणीं काडलीं, तीं मुठींत धरलीं आनी हॉटॅलवाल्याच्या कानाकडेन व्हरुन हालयलीं.

उपरांत ताणें विचारलें, 'तुका कसलो आवाज बी आयला?'

हॉटॅलवाल्यान म्हळें, 'हय. पयशांचो आवाज.' उपरांत नसरूद्दीनान दुसऱ्या कानाकडेन मूठ व्हरुन हालयली आनी विचारलें, 'आतां किदें आयकूंक येता?'

'हय सायबा, पयशांचोच आवाज.' ताणें म्हळें. नसरुद्दीनान नाणीं बोल्सांत घालीं आनी म्हळें, 'हय, मनशान खाणाचो फकत वास घेतला. ताजें मोल म्हणून पयशांचो आवाज खूब जालो. तो तुका मेळ्ळो. आतां तुज्यान वचूं येता.'

हॉटॅलवाल्याचें तोंड इल्लेंशें जालें. त्या मनशाचें भुकेल्लें तोंडूय खोशयेन उपाट भरलें.

म्हजी फामील

विद्या नाडकर्णी



आजो म्हजो दाजी
हाडटा सदाच-भाजी।

आजी म्हजी सीत्ताबाय
करता म्हजी अपुरबाय।

पापा म्हजो-आदोगाद
आईकडे घालता सदांच वाद।

आई म्हजी टिचर
अभ्यास कर म्हणटा दिसभर।

ताई म्हजी खूब गोरी
जातली म्हणटा 'हवाई सुंदरी'।

दादा म्हजो दिसता हिरो
परीक्षेंत्त मात गूण मेळटात झिरो।

हांव सग्ळयांपरस सान
सांगिल्लें आयकना म्हणून पिळटात्त म्हजो कान।

नामनेचे सुक्ष्मजीवशास्त्रज्ञ
रोनाल्ड रॉस

अजय प्रभू

आयज आमच्या गोंयांत लेगीत मलेरियाचें दुयेंस वाडत म्हणून सगल्याच पांवड्यांर एकवटीत यत्न एकसारके चालू आसात. पूण ह्या दुयेंसाचेर आळो हाडप शक्य जालें, तें मुखेल करून ब्रिटीश दोतोर रोनाल्ड रॉस आनी इटालियी डॉ. ग्रासी हांणी केल्ल्या मोलादीक. संशोधनाक लागून. मलेरियाच्या परजिवी जंतूंच्या जिणेचक्राचो गट पयलीं उक्ताडार हाडलो रॉस हाणें.

रोनाल्ड रॉस हाजो जल्म १८५७ वर्सा हिमालयाचे कुशींत जालो. ताजो बापूय सर कॅम्बेल रॉस ब्रिटीश सैन्यांत जनरल आशिल्लो. रॉसाक दोतोर जावपाची इत्सा नाशिल्ली. लेखक, कवी, चित्रकार वा

संगीत-रचनाकार जावंचें अशें ताका दिसतालें. पूण बापायक मात पूत दोतोरूच जावंचो, अशें मनापासून दिसतालें. ते प्रमाण, १८७४ त दोतोर जावपाखातीर रॉस लंडनांतल्या एका हॉस्पिटलांत रुजू जालो. वैजकी वेवसाय परवानो परिक्षा आनी भारतांतली सेवा पात्रताय परिक्षा पास जावन तो १८८४ त भारतांत आयलो. पिडेस्तांक तपासप, वखदां दिवप अशा वावरांत ताजें मन रमनासलें. १८८९ त लंडनांत सुटयेंत गेल्लेकडेन ताणें 'समाजीक भलायकी' हेविशींचो अभ्यासक्रम शिकून पदविका घेतली. सूक्ष्मजीवशास्त्राचो एक अभ्यासक्रम पुराय करुन सूक्ष्मदर्शक आनी नव्या गिन्यानाची उर्बा घेवन रॉस भारतांत परत आयलो.

तेमेरेन फ्रँच दोतोर लाव्हेरान हाणें मनशांच्या मलेरियेच्या परिजिवाचो सोद लायल्यार १० वर्सां जाल्लीं. पूण रॉसाक लाव्हेरानाचें म्हणणें मान्य नाशिल्लें. लाव्हेरानाचें म्हणणें खोडून काडपी एक निबंद रॉस हाणें १८९३ त उजवाडायलो. ताजें म्हणणें चूक आशिल्लें पूण ताजो एकंदर आत्मविस्वास पळोवन लंडनांतलो नामनेचो दोतोर पॅट्रीक मॅन्सन प्रभावीत जालो. डॉ. मॅन्सन हाणें चीनांत फायलेरियेचो (हतीरोग) अभ्यास केल्लो आनी जळारां फायलेरियेचे कृमी रक्तावांगडा शोशून घेतात आनी तांची वाड जळारांनी जाता हें दाखोवन दिल्लें. मलेरियेचो परजिवी लेगीत जळारांवरवीं पातळटा, अशी ताजी खात्री आशिल्ली. (आदिवासी आनी पुर्विल्ल्या वैजकी शास्त्रांनीय असोच

अदमास प्रगटायिल्लो अशो उल्लेख सुश्रृत संहितेंत मेळटात).

१८९४ त रॉस आनी मॅन्सन हांणी एकठाँय येवन उलोवणीं केलीं. मॅन्सनान आपणाकडेन येवपी पिडेस्तांच्या रगतांतले मलेरियेचे परजिवी रॉसाक दाखयले. जळारांनी मळेरियाचे जंतू कशे वाड़टात आनी जळारांवरवीं तो कसो पातळटा हाजो सोद रॉसान घेवंचो अशें मॅन्सनान सुचयलें.

भारतांत येतकच रॉसान प्रयोगशाळेंत 'क्युलॅक्स' आनी एंड़िस जातीच्या जळारांची अळ्यांपसून वाड करपाक सुरवात केली. ह्या जळारांक मलेरियेच्या पिडेस्तांचें रगत शोशपाक लावन जळारांचें संशोधन करपाक ताणें नेटान सुरवात केली. ताजे खर यत्न फुकट वताले पूण तो निरशेलोना-खरशेलोना.

१८९७ त ताका मातशें येस मेळ्ळें. चिकाटी आनी कश्ट फळाक आयले. उटकमंडाक काम करतना ताणें पयलेच खेपे 'ॲनोफिलीस' हें पांखांचेर थिपके आशिल्लें जळार पळयलें. प्रयोगांखातीर आयजवेर आपूण चुकीचीं जळारां वापरतालों हें ताका होलमलें. हीं जळारां ताणें प्रयोगशाळेंत वाडोवन तांका मलेरियेच्या पिड़ेस्तांचें रगत शोशपाक लायलें मलेरिया जंतूंचें रुपांतर जावन **oocyst** ह्या रुपांत ते जळारांच्या पोटांत वाडटात. हें ताणें पारखिलें. त्या वेळार बरयल्ले एके कवितेंत ताणें म्हळां "लाखांनी लोकांचो खून करपी धूर्त बियांनो, तुमचीं पाळांमुळां म्हाका कळ्ळ्यांत."

ह्याच काळांत रशियी शरीरक्रियाशास्त्र जाणकार डॉ.

दॅनिलेवस्की हाणें स्वतंत्रपणान सुकण्यांकूय मलेरियेचें दुयेंस जाता आनी तांचो परजिवी आसता, हें दाखोवन दिल्लें. रॉसान आपलें संशोधन सुकण्याचें मलेरियेचेर सुरू केलें. मलेरिया आशिल्लें शेवणें, ताजेर पोसपी जळारां, जळारांतल्या मलेरियेच्या परजिवीची वाड आनी जळारां चाबिल्ल्यान निरोगी शेवण्यांक जडिल्ली मलेरियेची पिडा असो प्रयोग करून रॉसान मलेरियेचें सैमचक्र उत्तें करून दाखयलें. २४ जुलय १८९८ दिसा ब्रिटीश वैजकी संघटणेचे बसकेंत मॅन्सन हाणें रॉसाचो सोद जाहीर केलो.

सुकण्यांमदीं मलेरियेचे परजिवी आनी मनशांचे परजिवी एकाच गोत्रांतले आसतात. मनशांचो मलेरिया जळारांवरवीं असोच पातळत वतलो हें सामकें निश्चित केल्लें. तरीय पुरावो जाय आशिल्लो. लस्करी सेवेंतल्यान निवृत्त जावन लिव्हरपूलाक **tropical medicine** चो व्याख्यातो म्हणून रॉस रुजू जालो आनी ताणें थंय मनशांतल्या मलेरियेचें चक्रूय सिद्ध केलें. १९०२ त ताका वैजकीशास्त्राचो नोबॅल पुरस्कार फावो जालो.

रॉसाचो सोद शंबर वर्सां पयलींचो. पूण मनशाक मलेरियेचेर आळो घालप थोड्याभोव प्रमाणांत शक्य जालें तें ह्या सोदाक लागून आयज मलेरियेचेर लस तयार करपाचे यत्न शास्त्रज्ञ करीत आसात.

रॉसाक १६ सेतेंब्र १९३२ ह्या दिसा मरण आयलें.

ALL THE WRITERS AND ARTISTS OF ALL LANGUAGES ALL OVER THE WORLD ARE REQUESTED TO SEND THEIR BIO-DATA BY FILLING UP THE FOLLOWING FORMAT.

NEHRU CHILDREN'S LITERATURE ACADEMY

(ନେହେରୁ ଚିଲ୍‌ଡ୍ରେନସ୍ ଲିଟରେଚର୍ ଏକାଡେମୀ)

Regd. No- JSP-1165 / 12 Of 2001-2002

AT-PAKANPUR, P.O.-KADUAPADA-754 106
DIST- JAGATSINGHPUR (ORISSA)

BIO-DATA

(Please fill up the format in Oriya, Hindi or English in typing or good handwriting. Send your bio-data along with a postcard size photograph to the Secretary)

1. Name, 2-Date of birth, 3-Permanent Address, 4-Present Address, 5-Language(s) you know, 6-Language(s) you write in 7-Qualification, 8-Occupation, 9-If you edit any periodical(s)/ Newspaper(s) (give detalils), 10-Books published(a) Children books, (b) Other Books, 11- Articles Published in (a) Children Magazines, (b) Other Magazines (c) Newspapers 12- Any Honours (Citations / awards etc) won. If so give details. 13- Any other creation except literature, 14- No. of children you are blessed with (a) son(s), (b) daughter(s), 15- Father's Name, Age, Qualification and Occupation, 16- Mother's Name, Age, Qualification and Occupation, 17- Wife/Husband's Name, Age, Qualification and Occupation, 18-Your hobby, 19- Your feelings towards mankind.

Date____________ Signature

MOGAL BHAYAN (Konkani) R.N.I. Regd. No- ORIKON/2001/4230
VOLUME -III, ISSUE- II QUARTERLY JULY-SEPTEMBER, 2003

पढ़िए..... *रचनाएँ भेजिए.....*

(अलग अलग पत्रिकाओं के लिए अलग अलग रचनाएँ)

सुना भउणी	ओडिआ	प्रिय ताई	मराठी
प्यारी बहन	हिन्दी	पिआरी भेण	पंजाबी
लविं सिष्टर	इंराजी	दुलालिया मिशेरा	सान्ताली
सोना बोन	बंगला	प्यारी बहिनी	नेपाली
प्रियमैनाचेल्लेलु	तेलगु	नूंशिरबी इचल	मणिपुरी
सुवर्णा भगिनी	संस्कृत	मोगाळ भयण	कोंकणी
वहाली बहेन	गुजराती	सुना बहेन	कोशली
प्रिय सोदरी	कन्नड	पनुन बईन	काश्मिरी
आंबू सागोथारी	तामिल	लाडली भैण	राजस्थानी
प्यारी बहन	उर्धु	लाडली भैण	डोगरी
प्यारी भेण	सिन्धी	दि वार्लड चिल्ड्रेन्स लिटरेचर (ओड़िआ, इंराजी, हिन्दी)	
मरमर भण्टि	असमिया		
प्रिय सहोदरी	मालायालाम		

Printed, Published and Owned by Bijaya Kumar Mohapatra and printed at Kumar Printers, Gopalsagar, P.O./ Dist. Jagatsinghpur and published at Pakanpur (Kathiapada), P.O. Kaduapada, Dist. Jagatsinghpur (Orissa)

Editor :- Bijaya Kumar Mohapatra